Akashwani Panaji National news 8.40 am 8th March 2026

५५

केंद्र सरकारान  आदिवासी समाजाच्या उदरगती खातीर जायत्यो उपाययेवजन्यो केल्यात जातुत सांस्कृतीक परंपरा आनी भाषांचो आस्पाव आसा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलें. अस्तंत बंगालांतल्या दार्जिलिंगांत जाल्ल्या धाव्या आंतरराष्ट्रीय संथाल परिशदेंत ताणी उलोवप केले

Pres

आयज आंतरराष्ट्रीय बायलां दीस मनयतात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू  हांणी आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान देशांतल्या सगळ्या नागरिकांक, खास करून बायलांक परबी भेटयल्यांत. बायल ही समाजाची आनी राष्ट्राची बुन्याद आसा , शिकिल्यो आत्मनिर्भर आनी सशक्त बायलों एक समृध्द आनी पुरोगामी राष्ट्र उबारपाक म्हत्वाचें योगदान दिवंक शकतात हचेर ताणी भर दिलो. शिक्षण, विज्ञान, खेळ, कला  आनी संरक्षण ह्या सारक्या वेगवेगळ्या मळार बायलांन आपली प्रतिभा दाखयल्या आनी आयज तरणाट्यो बायलो नव्या भारताचीं सपनां साकार करतात अशें ताणी सांगले . मजगती राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान नवी दिल्लीत जावपी कार्यावळीक मार्गदर्शन करतल्यो. बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळीक बायलां आनी बाल विकास मंत्री अन्नपूर्णा देवी आनी राज्यमंत्री सावित्री ठाकुर हाजीर रावतल्यो . इतले मजगती आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान आयज  नवी दिल्लींत बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान शक्ती पदयात्राचें आयोजन केला . सकाळीं 7:30 ते 10 मेरेन जावपी ही पदयात्रा इंडिया गेट सावनसुरु जावन विजय चौक मेरेन चलतली .वेगवेगळ्या मळार बायलांच्या फुडारपणाच्या भुमिकेक मान दिवप आनी बायलांची  सुरक्ष आनी सशक्तीकरणा खातीर सरकाराची वचनबद्धताय दाखोवप हो ताचो हेत आसा.

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत सुमार 33 हजार 500 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून बुन्यादि फातर  घालतले. प्रधानमंत्री  सुमार 18 हजार 300 कोटी रुपयांच्या दिल्ली मेट्रो प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.

दिल्ली मेट्रोच्या दोन नव्या कॉरिडोरांचें उक्तावण ते करतले. तातूंत मजलीस पार्क-मौजपूर बाबरपूर पिंक लायन कॉरिडोर सुमार 12.3 किलोमीटर आनी दीपाली चौक-मजलीस पार्क मॅजेंटा लायन कॉरिडोर सुमार 9.9 किलोमीटर हांचो आस्पाव जाता. नव्या जोडणीचो दिल्लीच्या जायत्या वाठारांक फायदो जातलो, तातूंत बुरारी, जगतपूर-वजीराबाद, खजुरी खास, भजनपुरा, यमुना विहार, मधुबन चौक, हैदरपूर बदलली मोर, भलासवा, मजलीस पार्क हांचो आस्पाव आसा.ह्या निमतान प्रधानमंत्री मोदी दिल्ली मेट्रोच्या फेज फायव्ह-ए खाला 16 किलोमीटरां परस चड लांबायेचो तीन नव्या कॉरिडोरांचेय बुन्याद घालतले. आश्रम मार्ग ते इंद्रप्रस्थ, एरोसिटी ते इंदिरा गांधी विमानतळ टर्मिनल-1, आनी तुगलकाबाद ते कालिंदी कुंज अशे तीन नवे मार्ग आसात. तशेंच जनरल पूल रेसिडेन्सी ॲकॉमोडेशन (जीपीआरए) पुनर्विकास येवजणे खाला 15 हजार 200 कोटी रुपयांच्या जायत्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले . पुनर्विकास येवजणेंत सरकारी कर्मचाऱ्यांच्या राबित्याखातीर 9,350 परस चड आधुनीक फ्लॅट मेळटले आनी तेच बरोबर सुमार 48 लाख चौखण फूट कार्यालयीन सुवात तयार जातली, जाका लागून प्रशासकीय कार्यक्षमताय खूब वाडटली.

china

तैवानाचे  आमदार चिया-पिन चुंग हांणी ह्या वाठारांत स्थिरताय तिगोवन दवरपाक भारताची म्हत्वाची भुमिका आसा आनी प्रादेशिक शांतताय आनी समृध्दी खातीर भारता सारकिल्या देशां वांगडा वावुरपाची आस्त तैवानाक आसा अशें सांगलें. भारतीय खबरां एजन्सी कडेन उलयतना चुंग हांणी , भारताच्या पद्दती प्रमाण तैवानाक चीना कडेन शांततायेचे संबंद जाय अशे सांगलें . पूण चीनाची बेकायदेशीर प्रादेशिक महत्वाकांक्षा आसा आनी तैवान चीनाचो भाग असो चीनाचो दावो तैवान मान्य करना अशें तांणी स्पष्ट केले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सोमारा 9 मार्चाक "सबका साथ सबका विकास - शिक्षण, कुशळटाय आनी विद्यापीठ टाउनशिप" ह्या वेबिनारांत उलोवप करतले. 2026-27 वर्साच्या  अर्थसंकल्पांत केल्ल्या घोशणां विशीं वेबिनारांत चर्चा जातली अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान सांगलां. देशांतली शिक्षण, कुशळटाय, एनिमेशन आनी व्हिज्युअल इफेक्ट्स, गेमींग कॉमिक्स आनी क्रिएटर इकॉनॉमी इकोसिस्टम घटमूट करप हो ताचो  हेतू आसा.

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आभासी पावन्द्यार राजस्थानांतल्या कोटात नव्या ग्रीनफील्ड विमानतळाचो बुन्यादि फातर बसयलो.

विमानतळांच्या विकासाक लागून जोडणी सुदारताच पूण भोंवतणच्या शारांनी उद्देग आनी पर्यटनाकय चालना मेळटा अशें तांणी सांगलें. .

War

आयज णवव्या दिसा अस्तंत आशियांतलो संघर्श खर जाला आनी आखाती वाठारांतल्या जायत्या देशांनी ताचो विस्तार जाला. अमेरिकेचीं संयुक्त संस्थानां, इझ्राएल आनी इराण ह्या वाठारांत हवाई हल्लो, क्षेपणास्त्र हल्ले आनी ड्रोन कारवाय चालूच आसात. इझ्राएलाचे सगळे उद्दिश्ट साध्य जाय मेरेन इराणा आड लश्करी कारवाय चालू दवरतले अशें इझ्राएलाचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहू हांणी सांगलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या व्हिडियो संदेशांत तांणी इझ्राएल पायलट, सैनिक, सुरक्षा दळ आनी नागरिकांनी चालू आशिल्ल्या संघर्शांत धैर्य दिवन तांची तोखणाय केल्या. इझ्राएल संरक्षण दळान इराणाच्या परचीन आनी शाहरुद हांगाच्या दोन मुखेल बॅलिस्टीक क्षेपणास्त्र उत्पादन सुवातांचेर हल्लो केल्ल्याचें सांगलां. इराणाच्या इस्लामिक रिव्हॉल्युशनरी गार्ड कोर्पान हाइफा तेल शुध्दीकरण कारखान्याचेर खैबरशेकान क्षेपणास्त्रां मारल्यात असो दावो केला. तशेंच हाइफाच्या नौदल तळाचेर क्षेपणास्त्रां उडयलीं आनी किरियात श्मोना कडेन रॉकेट उडयले अशेंय हिजबूल्ला सांगलां.

US

अमेरिकेंत तेल भरपूर आसा हाचेर भर दिवन तेलाचे दाब उणो करपा खातीर अमेरिकेचो रणनिती पेट्रोलियम रिझर्व्ह (एसपीआर) वापरपाचो विचार करतले अशें अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलें. अमेरिकेचे खजिना सचीव स्कॉट बेसेंट हांणी भारताक तात्पुरतें रशियेचें तेल विकतें घेवंक मेळटलें अशें जाहीर केल्ल्याक जाप दितना राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी हे सांगलें . भारतान हाचे पयलीं मान्य केल्लें रशियन तेल विकतें घेवप बंद करून ताचे सुवातेर अमेरिकेचें तेल वापरलां आनी संवसारीक बाजारपेठ भारताक तात्पुरती उर्जेची गरज भागोवपाक मदत जातली अशें बेसेंट हांणी नमूद केलें.सुमार ४० टक्के तेल आयात करपाखातीर भारत मध्य उदेंताचेर आदारून आसा.कैंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप पुरी हांणी भारताचा उर्जा पुरवनेण , कच्च्या तेल, एलपीजी वा एलएनजीचो उणाव ना अशें आश्वासन दिला . देश दिसाक दोन फावटीं उर्जेचे परिस्थितीचो नियाळ घेता आनी सुधारणा करता . रशियेंतल्यान भारताची आयात 2022 वर्सा फेब्रुवारी 2026 वर्सा सुमार 20 टक्क्यांनी वाडल्या आनी दिसाक वट्ट सुमार 1.04 दशलक्ष बॅरल जाता.

मध्य उदेंतांतल्या तणावा मदीं संवसारीक तेलाचे दर स्थीर करपाक मदत करपा खातीर 30 दिसांची सवलत हो अल्पकाळांतलो उपाय अशें अमेरिकेचे उर्जा सचीव ख्रिस रायट हांणी सांगलें.

imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर आनी उत्तराखंडात पावसाचो अदमास उक्तायला . तशेंच ह्या दिसा ओडिशा, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात वीज आनी वादळी वाऱ्या वांगडा गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 सवसरीक करंड क्रिकेट सर्तीच्या फायनलींत आयज भारत आनी न्यूझीलंड पांगडाआड खेळटलो.